150

आयज कोलकाताच्या ब्रिगेड परेड मैदानाचेर जाल्ल्या सुवाळयांत सुवेन्दु अधिकारी हांणी अस्तंत बंगालातलो भाजपाचो पयलो मुख्यमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. राज्यपाल आर.एन. रवी हाणी मुख्यमंत्री आनी पांच नव्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांक पद आनी गोपनीयेचो सोपूत दिलो. ह्या मंत्रीमंडळांत दिलीप घोष, अग्निमित्रा पॉल, अशोक कीर्तनिया, निशीथ प्रामाणिक आणि क्षुदिराम टुडू हांचो आस्पाव जाता.सोपूत घेतल्या उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगलें

मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुवेन्दु अधिकारी आनी पांच नव्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांक परबीं दिल्यात. ह्या फुडाऱ्यांनी गावगीर्या पांवड्यार मेहनत करून लोकांची सेवा केल्या आनी ते अस्तंत बंगालाचे उदरगतीची दिका आनीक घटमूट करतले असो विस्वास ताणी उक्तायला.

इतले मजगती सुवेंदू अधिकारी हांच्या फुडारपणा खाला भाजपा सरकारान अस्तंत बंगालांत नव्या युगाची सुरवात केल्या अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. अस्तंत बंगालात जाल्ले सोपुतविधी सुवाळयाक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हाजेरी लायली. अस्तंत बंगालचे मुखेलमंत्री सुवेंदू अधिकारी आनी हेर मंत्र्यांक गोंयचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी परबीं दिलीं.

रवींद्र जयंती'

आयज 'रवींद्र जयंती' .'ह्या निमतान उपराष्ट्रपति सी.पी.राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 'गुरुदेव' रवींद्रनाथ टागोर हांका आर्गां ओपल्यात. गुरूदेव टागोराचें योगदान साहित्याच्या मळा भायर पातळां ताच्या वावरांत भारतीय संस्कृतायेची गिरेस्तकाय आनी मनीसपणाच्या सार्वत्रिक मुल्यांचें प्रतिबिंब दिसता आनी ताची शिकवण सदाच लोकांक मार्गदर्शन करतली अशी आस्त सोशल मिडिया पोस्टावरवि ताणी उक्तायली.मजगती रवींद्रनाथ टागोर हांच्या नव्या विचारांनी, सृजनशील उर्जेन आनी सांस्कृतीक आत्मविस्वासान समाज समृध्द केलो अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी सांगलें.

75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां तेलंगणात सुमार 1हजार 535 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या रेल्वे मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. एकशे अठरा किलोमीटर लांबायेच्या काझिपेट-विजयवाडा मल्टी ट्रॅकिंग प्रकल्पाचें आनी काझिपेट रेल्वे अंडररेल बायपासाचे उक्तावणा सयत साबार कार्यावळींनी प्रधानमंत्री वांटो घेतले. फाल्यां सांजवेळा सिकंदराबादच्या परेड मैदानार प्रधानमंत्री भौशीक बसकेंत उलोवप करतले. उपरांत प्रधानमंत्री दोन दिसांचे गुजरात भोंवडेर वतले भेटीच्या दुसऱ्या दिसा ते सोमनाथ देवळाच्या जीर्णोध्दाराच्या 75व्या वर्साच्या निमतान आयोजीत केल्ल्या सोमनाथ अमृत महोत्सवांत वांटो घेतले. ह्यावेळार प्रधानमंत्री सोमनाथाच्या गिरेस्त दायजाचेर आनी आध्यात्मिक म्हत्वाचेर आदारिल्लें यादस्तीक टपाल तिकीट आनी नाणे जारी करतले.

विदेश व्यवहार मंत्री

त्रिनिदाद आनी टोबॅगो भेटी वेळार विदेश व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भारत , त्रिनिदाद आणो टोबॅगो हांचे मदल्या पारंपरिक संबंधांची तोख्णाय करताना सांगले
तशेच ताणी त्रिनिदाद आनी टोबॅगोचे प्रधानमंतत्रायंची भेट घेवून द्विपक्षीय सहकार्य आनिक घटमुट करपावीशी भासभास केली. ह्या वेळार पर्यटन, विदेश मंत्रालय आनी कॅरिकॉम वेव्हार इमारती खातीर सौर उर्जा, जायते प्रकल्प आनी आयुर्वेद केंद्राची स्थापणूक हांचे सयत जायत्यो कबलाती जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

जन सुरक्षा येवजण'

प्रधानमंत्री सुरक्षा बीमा 'प्रधानमंत्री जीवन ज्योति बीमा आनी 'अटल पेन्शन येवजण' ह्या येवजणनी देशातल्या नागरिकांक समाजीक सुरक्षा कवच दिवपाची 11 वर्सां पुराय केल्यांत. खास करून समाजांतल्या वंचित आनी असुरक्षित घटकांक अर्थीक संरक्षण दिवप हि ह्या येवजण्यो हेत आसा

एक कळोवणी
आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी 'खबरा
वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान
अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाचीनिमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

हवामान
गोंयांत फुडले दोन दीस तापमानात वाड जावपाची शक्यताय आसा देखून नागरिकांनी भलायकेची जतनाय घेवची अशें आवाहन गोंय हवामान खात्याचे मुखेली नहुश कुलकर्णी हांणी केलां.

खेळ 20
आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजवेळा 7:30 वरांचेर जयपूरच्या सवाई मानसिंह मैदानार राजस्थान रॉयल्स आनी गुजरात टायटन्स
पांगडा मदी खेळ जातलो .

साहिल जाधव हाणी आयज चीनांत आशिल्ल्या 'आर्चरी वर्ल्ड कप स्टेज 2' सर्तींत दादल्यांच्या वैयक्तीक 'कंपाउंड' सर्तींत काश्या पदक जिखलें.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.